लोकसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या टप्प्या खातीर आज अधिसुचोवणी जारी जातली.

लोकसभा वेचणुकीच्या पहिल्या टप्प्याखातीर आनी ईशान्येकडल्या दोन राज्यांनी एकाच टप्प्यात जावपा आशिल्ल्या विधानसभा वेंचणुकेखातीर उमेदवारी दाखल करपाची प्रक्रिया काल सांजवेळा सोंपली.

लष्कराच्या कमांडर्सची परिशद-2024 आयज सावन नवी दिल्लींत हायब्रीड मोडांत सुरू जातली.

दिल्ली उच्च न्यायालयान मुख्यमंत्री अरविंद केजरीवाल हांका तात्काळ अंतरिम दिलासो दिवपाक नकार दिला.

Indian Premier league क्रिकेट सर्तीत आयज सांजवेळार जयपूरच्या सवाई मानसिंह स्टेडियमांत राजस्थान रॉयल्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स हांचे मदीं मॅच जातली.

Loksabha second

लोकसभा वैचणुकेच्या दुसऱ्या टप्प्या खातीर फाल्यां अजि अधिसुचोवणी जारी जातली. ह्या टप्प्यांत मणिपूरांतल्या एका मतदारसंघा संयत 12 राज्यां आनी केंद्रशासीत 314मा।ऽो प्रदेशांतल्या 88 लोकसभा मतदारसंघानि वैचणूक जातली.

दुसर् या टप्प्यांत केरळांतले 20, कर्नाटकांतले 14, राजस्थानांतले 13, उत्तर प्रदेश आनी महाराष्ट्रांतले दरेकीं आठ, मध्य प्रदेशांतले 7, आसाम आनी बिहारांतले दरेकी 5, अस्तंत बंगाल आनी छत्तीसगदातले दरेकी तीन, आनी मणिपूर, त्रिपुरा आनी जम्मू-काश्मीरातल्या दरेकी एका मतदारसंघात वेंचणूक जातली.

4 एप्रील मेरेन उमेदवारी अर्ज दाखल करूं येतात. ह्या टप्प्या खातीर मतदान 26 एप्रीलाक जातलें. जम्मू-काश्मीर सोडल्यार सगल्या राज्यांनी आनी केंद्रशासित प्रदेशांतल्या उमेदवारी अर्जाची छाननी 5 एप्रीलाक जातली. जम्मू- काश्मीरांत 6 एप्रीलाक छाननी जातली.

Nominations

लोकसभा वैचणुकेच्या पयल्या टप्प्याखातीर काल देशभरांतल्या जायत्या नामनेच्या उमेदवारांनी निमाण्या दिसा उमेदवारी अर्ज सादर केले. भाजपाचो वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी, हांणी काल महाराष्ट्रांतल्या नागपूर लोकसभा मतदारसंघा खातीर आपलो उमेदवारी अर्ज दाखल केलो. त्रिपुरांत त्रिपुरा अस्तंत लोकसभा मतदारसंघांतल्यान भाजपा उमेदवार बिप्लब कुमार देब आनी काँग्रेसींतले ताचे लागींचे प्रतिस्पर्धी आशीष साहा हांणी काल अगरतळात उमेदवारी अर्ज दाखल केले. मध्य प्रदेशांत निमाण्या दिसा भाजपा आनी काँग्रेस सयत सगल्या मुखेल पक्षांच्या नामनेच्या उमेदवारांनी उमेदवारी अर्ज सादर केले.

तशेंच उमेदवारी अर्ज सादर करपाच्या निमाण्या दिसा काँग्रेसीन लोकसभा वैचणुके खातीर आनीक 14 उमेदवारांची वळेरी जाहीर केली. पक्षान गाझियाबाद लोकसभा मतदारसंघात डॉली शर्मा हांका उमेदवारी दिली, जाल्यार नकुल दुबे यूपीतल्या सीतापूर मतदारसंघातल्यान वेंचणूक लढयतले. पक्षाचे फुडारी कालीचरण मुंडा हे झारखंडतल्या खुंटी लोकसभा मतदारसंघातल्यान वैचणूक लढयतले. प्रताप भानू शर्मा हांका विदिशा आणि राव यादवेंद्र सिंह हांका मध्य प्रदेशातल्या गुना लोकसभा मतदारसंघांतल्यान तिकेट मेळ्ळ्या.

BJP

भारतीय जनता पक्षान लोकसभा वेंचणुके खातीर 11 राज्यां आनी 2 केंद्र शासित प्रदेशां खातीर पक्ष वैचणूक प्रभारी आनी सहप्रभारी नेमल्यात. हरियाणा भाजपाचे आदले अध्यक्ष ओपी धनखरहांका दिल्लीचे प्रभारी, जाल्यार पक्षाचे खासदार डॉ दिनेश शर्मा हांका महाराष्ट्राचे प्रभारी आनी आमदार अभय पाटिल हांका तेलंगणाचे प्रभारी केल्यात. पक्षाचे आमदार संजीव चौरसिया आनी पक्ष फुडारी रमेश बिधुरी आनी संजय भाटिया हांकां उत्तर प्रदेशाचे सह-प्रभारी केल्यात. पक्षाचे आमदार नितीन नवीन हांका छत्तीसगडाचे प्रभारी आसतले, पक्ष फुडारी नलीन कोहली हांका नागालँडाचे प्रभारी जाल्यार कॅप्टन अभिमन्यु हांका आसामाचे प्रभारी केल्यात

ARMY-COMMANDER CONFERENCE

लष्कराच्या कमांडर्सची परिशद-2024 आयज सावन नवी दिल्लींत हायब्रीड मोडांत सुरू जातली. परिशदे वेळार रक्षामंत्री राजनाथ सिंग फुडल्या म्हयन्याच्या 2 तारखेक उपस्थितांक उद्देशून उलोवप करतले आनी वरिश्ठ लश्करी फुडा कडेन संवाद सादतले.

ज परिशदेच्या पयल्या दिसा लश्कर प्रमुख जनरल मनोज पांडेय आपल्या कमांड मुख्यालयांतल्यान virtual माध्यमांतल्यान सहभागी लश्करी सेनापती कडेन संवाद सादतले. क्षेत्रीय सेना आणि माजी सैनिकांच्या कल्याणाचेर परिणाम करपी मुद्यांचेर यावेळार चर्चा जातली. म्हयाच्या

1 एप्रीलाक लश्कराचे वरिश्ठ फुडारी विचारमंथन सत्रांत वांटो घेतले. कार्यात्मक परिणामकारकता वाढवप, नवनिर्माण आणि अनुकूलनक्षमतेच्या संस्कृतीक प्रोत्साहन आणि भविष्यातल्या आव्हानांखातीर तत्परता सुनिश्चित करपाखातीर प्रशिक्षण आणि विकास कार्यक्रमांत गुंतवणूक करप, हे या सत्रांचे उद्दिष्ट

आसतले. तशेंच विचारमंथन सत्रांत कर्मचाऱ्यांच्या आनी तांच्या कुटुंबाच्या कल्याणा संबंदीत प्रस्नांचेर विचार जातलो. ताचे उपरांत लष्करप्रमुखांच्या अध्यक्षतेखाला आर्मी ग्रुप इन्शुरन्सच्या गुंतवणूक सल्लागार समितीची बसका जातली.

Kejriwal

दिल्ली उच्च न्यायालयान मुख्यमंत्री अरविंद केजरीवाल हांका तात्काळ अंतरिम दिलासो दिवपाक नकार दिला. अबकारी धोरण घोटाळ्यातल्या मनी लॉड्रिंग प्रकरणात मुख्यमंत्री अरविंद केजरीवाल हांच्या अटकेक आणि स दिसांच्या कोठडीक आव्हान दिवपी याचिकेचेर उच्च न्यायालयान अंमलबजावणी संचालनालय-ईडीक नोटीस जारी केल्या. ह्या प्रकरणांत तो अंमलबजावणी संचालनालयाच्या कोठडीत आसा. न्यायमूर्ती स्वरन कांत शर्मा हांच्या खंडपिठान केजरीवाल हांच्या याचिकेचेर एप्रील मेरेन जाप दिवपाक ईडी के सांगलां. ह्या प्रकरणाची फुडली सुनावणी 3 एप्रीलाक जातली.

Kejriwal

दिल्लीचे मुख्यमंत्री अरविंद केजरीवाल हांच्या अटकेबाबत अमेरिकेच्या परराष्ट्र मंत्रालयाच्या प्रवक्त्यान केल्ल्या वक्तव्या विशी भारतान तीव्र निषेध नोंद केला. प्रत्येक देशाची स्वतःची कायदेशीर प्रक्रिया आसता अशें भारतीय परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां. एकाद्या देशान हेर देशांच्या सार्वभौमत्व आनी अंतर्गत बाबींचा आदर करप अपेक्षित आसा अशें मंत्रालयान सांगलें. देशाची कायदेशीर प्रक्रिया स्वतंत्र न्यायवेवस्थेचेर आदारिल्ली आसता, जी निष्पक्ष आणि वेळार निकालाखातीर वचनबद्ध आसता अशें मंत्रालयान सांगलें. लीग में

VP

महिला सक्षमीकरण है, जगाचे वर्तमान आणि भविष्य यासाखातिरची गुंतवणूक अशें उप्राष्ट्पत्ती जगदीप धनखर हाणी सांगलां. नवी दिल्लीत भारत मंडपमात फिक्कीच्या महिला संघटनेक 40 वर्सा पुराय झाल्यानिमित्तन आयोजित कार्यक्रमात ते काल उलैताले. लैंगिक समानता आणि महिला प्रणित विकास ही न्याय्य आणि प्रगतीशील समाजाची मूलभूत तत्वा अशे उपराष्ट्रपतीनी म्हळें. सशस्त्र दळांत बायलां खातीर कायम आयोग आनी सैनिक शाळांनी चलयांक प्रवेश दिवप अशा हालींच्या सकारात्मक उपक्रमाविशी तांणी नोंद केली.

टेनिस

A आयज मियामी ओपन टेनिस सर्तीतल्या दोट्टी गटातल्या उपांत्य फेरीयेत रोहन बोपण्णा आनी ताचो ऑस्ट्रेलियन जोडीदार मॅथ्यू एबडॉन स्पेनच्या मार्सेल ग्रॅनोलर्स आनी अर्जेंटिनाचो होरासिओ झेबॉलोस ह्या जोडीये आड जातलो. हो खेळ भारतीय वेळेप्रमाण राती 10.30 कसुरु जातलो.

रोहन बोपण्णा आनी मॅथ्यू एबडॉन ह्या जोडीयेन उपांत्यपूर्व फेरीयेत सॅम व्हर्बिक आनी जॉन पॅट्रिक स्मिथ ह्या जोडीयेक हारयले. ह्या जैतासयत रोहन बोपण्णा एटीपी दुहेरी क्रमवारीत टॉप-10त सुवात मेळयले आनी पॅरिस ऑलिम्पिकखातीर थेट पात्रताय मेळयली.

क्रिकेट

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर जाल्ल्या खेळात सनरायझर्स हैदराबाद पंगडान मुंबई इंडियन्स पंगडाचेर 31 धावंड्यानी जैत मेळयले. कल्पी

पयली फलंदाजी करपाखातीर आयिल्ल्या हैदराबाद पंगडान निर्धारित chan • 20 षटकांत 3 बाद 277 धावंड्यो क्रताना इतिहास घडयलो. हैदराबादच्या हेनरिक क्लासेन हांणे 34 बॉलात 80 धावंड्यो केल्यो, अभिषेक शर्माने 23 बॉलर्लान 63 जाल्यार ट्रॅव्हिस हेड हांणे 24 बॉलात 62 धावंड्यो केल्यो.

उपरांत मुंबई इंडियन्सचो पंगड 20 षटकांत 5 बाद 246 धावंड्योच काडपाक शकलो. मुंबईच्या तिलक वर्मान 34 बॉलान 64 धावंड्यांचे योगदान दिले. क्लासेनाक सामनावीर म्हूण घोषित केले. कला

जयपूरच्या सवाई मानसिंग स्टेडियमाचेर आयज राजस्थान रॉयल्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स पंगडा आड खेळ जातलो. हो खेळ सांजे साडेसातांक सुरु जातलो.